Panaji Regional 3rd January 2026 7.25am

Cm Rashmi

नोव्हेंबराच्या निमाणे मेरेन अर्थसंकल्पांतल्यान  निधीचो choppn takke वापर जाला; जाल्यार उरील्लया निधीचो उपेग 31 मार्च मेरेन जातलो.अर्थसंकल्पा/वरवी प्रस्तावीत जी कामा घेतल्या ताका  पंचणणव टक्के  निधीचो उपेग जातलो अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या.  पर्वरे मंत्रालयात  अर्थसंकल्पिय आस्वासना उपरातं हातात घेतील्ले प्रक्लप तशेचं हेर कामा आनी ताचेखातीर निदीचो उपेग हांचो नियाळ घेवपाक काल  मुखेलमंत्र्याच्य अध्यक्षतेखाला  वित्त खाते, तशेच  वेगेवगल्या खाते  प्रमुकाची बसका जाली. जे प्रक्लप  पुराय करपाचे आस्वासन सरकारान दिल्ले  ताचेर काम सुरु जाला अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा. जाल्यार हे फावट  जी.एस.टी कपातीचो परिणाम येणावळीचेर जाला अशे मुखेलमंत्री तशेंच वित्त मंत्री ह्या नात्यान प्रमोद सावंत हांणी मान्य केला.

Cm2 rashmi

आतां मेरेन 12 खनिज ब्लॉक लिलाव जाल्यात, तातूंतले 5 पयलींच कार्यरत आसात आनी 4 बेगीन सुरू जावपाचे आसा.  फुडल्या म्हयन्यांत आनीक स ब्लॉक लिलावा खातीर वयतले; खाजगी जमनीचेर डंप उखलपाक 5 कंपनींक संमती दिल्या, आनी सरकाराच्या धोरणांतल्यान डंप लिलाव ह्या म्हयन्यांत सुरू जातले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी काल पर्वरी मंत्रालयात खण वेवसायांविंशी जाल्लया बसके उपरांत दिल्या.

सुशांत

सां जुझे आरियल वाठारांत  उद्येगिक वसणुके लागसार आशिल्ले दोन बेकायदेशीर भंगार अड्डे काल पंचायतीन मोडले. ह्या वाठारांत सुमार 40 भंगार अड्डे आनी हेर बेकायदेशीर बांदकामां आसात आनी ह्या खंयच्याच बांदकामा खातीर पंचायतीन परवानगी दिवंक ना अशी म्हायती थळाव्यो सरपंच जॉयस डायस हांणी दिली.

Curtain raiser subhash

बुलबुल बाल चित्रपट महोत्सवाच्या आयोजनाचो एक वाटो म्हूण ५ जानेवारी दिसा शाळांचे मुखेली, शिक्षक आनी पालका खातीर खासा ' कर्टन रेजर' कार्यावळ

आयोजित केल्या. रविंद्र भवन मडगावा सकाळी ९ वरांचेर जावपी उपचारीक कार्यावळी उपरांत 'ताण वेवस्थापन 'ह्या विशयाचेर डॉ.अरविंद मुनी हांचे व्याख्यान आसतले. बुलबुल" बाल आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाची ओंदुची तिसरी आवृत्ती. म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें हो चित्रपट महोत्सव घडोवन हाडटा. ह्या महोत्सवाच्या उक्तावणाचो एक वांटो म्हण ही कर्टन रेजर कार्यावळ घडोवन हाडल्या.

खेडेकर महेश

तॉमास स्टीवन्स कोंकणी केंद्र आनी एथरनेट एक्सप्रेस फावंडेशन ह्या संस्थांच्या जोडपालवान सुरु केल्ल्या 'लेट्स ऑनर अवर हिरो' हे कार्यावळी खाला ज्येश्ठ लोकसंस्कृती संशोधक आनी पद्मश्री दिवन भारत सरकारान गौरव केल्ले वीनायक खेडेकार हांचो गौरव-सुवाळो बुधवार 7 जानेवारी 2026 ह्या दिसा सांजे 5.00 वरांचेर थारायला. ही कार्यावळ तॉमास स्टीवन्स कोंकणी केंद्राच्या सभाघरांत जातली आनी ती सगल्यां खातीर उक्ती आसतली.

वेदर

गोय वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण काल पणजेत चडांत चड तापमान ३0.6 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर उण्यांत उणें 20.4 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.

Sports –

पणजी जिमखाना मेंबर्स लीगाच्या (पीजीएमएल) पांचव्या आवृत्तीची भव्य सुरवात आज शेनवारा 3 जानेवारीक पणजी जिमखान्याच्या बांदोडकार क्रिकेट मैदानाचेर जातली. सकाळीं 8.30 वरांचेर उक्तावण सुवाळो जातलो. ते उपरांत पयली मॅच धेंपो चॅलेंजर्स आनी मानस मॅवरिक्स हांचे मदीं जातली.